११.०२.०२०२५  सकाळी ७.२५ वरां

प्रादेशिक खबरो

- बुधवारा म्हळ्यार फाल्या प्रयागराजल्या महाकुंभांत जावपी माघी पूर्णिमा न्हाणाच्या आदीं यात्रेकरु आनी पर्यटकांची खाशेली वेवस्था करपा खातीर भारतीय रेल्वे झुजापांवड्यार वावुरता. रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव  हाणी हाचे आदीं प्रयागराज रेल्वे स्टेशनाचेर हे वेवस्थेची पळोवणी केल्ली. निरिक्षण करतना मंत्री वैष्णव हाणी सध्याच्या गर्दीच्या परिस्थितीचो नियाळ घेतलो आनी रेल्वेचे तयारे विशीं वरिश्ठ अधिकाऱ्यां कडेन चर्चा केली. महाकुंभ खातीर शारांतल्या आठ रेल्वे स्टेशनांचेर सरकारान विस्तारान वेवस्था केल्ल्याचे दिल्लींत खबराकारांकडेन उलयतना मंत्री वैष्णव हांणी सांगलें

- दिल्लींत 'परीक्षा पे चर्चा' या कार्यावळीत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी विद्यार्थी, पालक आनी शिक्षकांकडेन सवाद साधलो.  ह्या भागात प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी शिक्षणाचें म्हत्व उक्तें करून शिक्षण सर्वांगीण उदरगती खातीर आसा शिक्षणाचे महत्त्व अधोरेखित केले. आयज प्रसिद्ध केल्ल्या व्हिडियोंत प्रधानमंत्र्यानी परिक्षेच्या वेळार ताण आनी चिंता कशी पयस करची हाचेर विद्यार्थ्यांक मार्गदर्शन केलें. विद्यार्थ्यांक वाढी खातीर आपली आवड सोदून काडपाचें स्वातंत्र्य जाय अशें तांणी भर दिलो. परिक्षा हेच सर्वस्वअशें कल्पनेन जगूंक फावना अशें मोदींनी नमूद केले. विद्यार्थी रोबॉट न्हय अशें म्हणत प्रधानमंत्र्यानी सांगलें की जर, विद्यार्थी पुस्तकांत अडकले जाल्यार ते वाडूंक शकनात. परिक्षेंत बरे कामगिरी करपा खातीर विद्यार्थ्यांनी आपल्या आवडीच्या कामांनी वांटो घेवचो असो उल्लेख तांणी केला. प्रधानमंत्र्यानी विद्यार्थ्यांक बरोवपाची संवय लावपाचो सल्लो दिलो. पोशण आनी निरोगीपणाचे म्हत्व उक्तें करून विद्यार्थ्यांक स्वतःक निरोगी दवरपाक  कड्डडणा आनी भाजी खावपाचो सल्लो दिलो. वैजकी शास्त्र न्हिदेचें म्हत्व वळखता हाचेर भर दिवन न्हीद पोशणाचेर आदारून आसता अशेंय तांणी नदरेक हाडलें. सकाळच्या वतात  घालपाक ताणें विद्यार्थ्यांक प्रोत्साहित केले. कमी गुणांक लागून घरांत तणावपूर्ण वातावरण निर्माण जाता, हो दबाव कसो पयस करचो हाचेर टिप्स दिल्यो. ह्या दबावाक लागून ताण येनासतना तयारी करची आनी स्वताक आव्हान दित रावपाचो सल्लो तांणी दिलो. ही कार्यावळ आकाशवाणी, दूरदर्शन, स्वयं प्रभा, पीएमओ यूट्यूब चॅनेल आणि शिक्षण आणि माहिती आणि प्रसारण मंत्रालयाच्या सोशल मीडिया चॅनेलवर थेट प्रसारीत जाता. हे आवृत्तींत सगळ्या राज्यांतल्यान आनी केंद्रशासित प्रदेशांल्यान सुमार छत्तीस विद्यार्थ्यांक प्रधानमंत्र्या कडेन थेट संवाद सादपा खातीर वेंचून काडील्ले.

- गोंयांत येवपी आंतरराष्ट्रीय पर्यटकांची संख्या वाडत आसा, 2023 वर्सा 4.52 लाख विदेशी पर्यटक गोंयांत आयिल्ले आनी फाटल्या वर्सा 4.67 लाख  परदेशी पर्यटक गोंयांत आयिल्ले अशी म्हायती पर्यटन मंत्री रोहन खवटे हांणी दिल्या. 2020 वर्सा वट्ट 3,00,193 आंतरराष्ट्रीय पर्यटक गोंयांत

आयिल्ले, पूण 2021 वर्सा हो आंकडो 22,128 मेरेन देंवलो अशें राज्य विधानसभेच्या हालींच सोंपिल्ल्या शिंयाळ्या अधिवेशनांत सादर केल्ल्या लेखी जापांत खवटे हांणी सांगलें. 2022 वर्सा गोंयांत परत एक फावट 1.69 लाख पर्यटकांसयत परदेशी पर्यटक आयले, उपरांत 2023 वर्सा राज्यांत 4.52 लाख आंतरराष्ट्रीय पर्यटक आयले तेन्ना व्हड प्रमाणांत वाड जाली अशें तांणी सांगलें. फाटल्या वर्सा 4.67 लाख आंतरराष्ट्रीय पर्यटक राज्यांत आयिल्ले अशें गोवा फॉरवर्ड पक्षाचे आमदार विजय सरदेसाय हांणी विचारिल्ल्या प्रस्नाक जाप दितना खवटे हांणी सांगलें. चार्टर्ड फ्लाइट, आंतरराष्ट्रीय वेळापत्रक विमान, क्रूझ आनी देशांतर्गत फ्लाइट्सतल्यान विदेशी पर्यटक गोंयांत आयिल्ले अशें मंत्र्यान सांगलें. 6 आनी 7 फेब्रुवारीक राज्य विधानसभेचें दोन दिसांचें शिंयाळी अधिवेशन जालें.

- चिंबला वाठारांतल्या बेकायदो बोर वॅलांचेर उदका स्रोत खात्यान बडी मारल्या. चिंबला सुमार ६० ते ७० बोअर वॅल मारिल्ल्याचें खात्याचे नदरेक आयलें. तांकां नोटीसी जारी जाल्यात आनी पुलिसांचे मजतीन बेकायदो बोअर वॅल बंद करतले, अशें उदका स्रोत मंत्री सुभाष शिरोडकार हांणी सांगलें. चिंबला सुमार ६० ते ७० बोअर वॅल मारल्यात अशी कागाळा आयिल्ली फुडें खात्याचे मुखेल अभियंते प्रमोद बदामी हांणी नोटीस काडल्या आनी सहाय्यक अभियंते आनी कनीश्ठ अभियंत्याक तांची पळोवणी करपाचे निर्देश दिल्यात, अशें शिरोडकार हांणी सांगलें. हे दोनय अधिकारी सुवातेर वचून तपासणी करतले आनी पुलिसांचे मजतीन ह्या बोअर वॅलींच्यो जोडण्यो कातरतले. ते भायर ज्या लोकांनी बेकायदो बोअर वेल मारल्यात तांचेर खर पावलां उबारतले.